**Panaji Regional News**

**1 Feb 2026,7.20pm**

**अर्थसंकल्प 2026**

अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी सादर केल्ल्या 2026-2027 वर्साच्या केंद्रीय अर्थसंकल्पांत भलायकी आनी बायोफार्मा उत्पादनाक रणनिती प्राधान्य दिलां. 1,000 मान्यताय प्राप्त क्लिनीकल ट्रायल स्थळांची स्थापणूक आनी बायोफार्मा शक्तीची घोशणा, ताचे खातीर ₹10,000 कोटी निधी, क्लिनीकल चांचण्यांक चालना दिवपाक आनी बायोलॉजिकल आनी बायोसिमिलरांच्या घरगुती उत्पादनाक पर्यावरण यंत्रणा तयार करपाक मदत करतली. आयुश मंत्रालयाक वाडिल्ल्या निधीक लागून मुळाव्या साधनसुविधांचो विस्तार करपाक, दर्जो आनी संशोधन आनी विकासांत सुदारणा करपाक देशांत आनी संवसारीक पांवड्यार मदत जातली. आयुर्वेदीक उत्पादनांची निर्यात करपाचो निर्णय संबंदीत उत्पादनाक लागपी पिकावळीक उर्बा दीवपी थारतली आनी अशा उत्पादनाक लागपी वखदी शेती करपाक मदत करतली अशे ASSOCHAM- गोंय राज्य परिशदेचे अध्यक्ष डॉ. सागर साळगांवकार हांणी म्हणला.

केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारामनाक केंद्रीय अर्थसंकल्प 2026 खातीर हांव परबीं दितां; समतोल उदरगत आनी विक्षित भारताची नदर साध्य करपाचो हेतू आशिल्लो आनी आत्मविस्वास आशिल्लो हो अर्थसंकल्प अशे जीसीसीआय ( goa chamber of commerce and industry ) चे उपाध्यक्ष यतीन काकोडकर हांणी म्हळा.

केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सितारामण हांणी मांडील्लो अर्थसंकल्प गोंयच्या पर्यटनाच्या नदरेन फायदेशीर आसा. Airlunes, waterways , Railway जोडणी घटमीट करप,तशेंच केन्सरासारख्या दुयेसाची वखदांचे मोल उणे करप,आर्युवदा उपचार पद्धतीक आनीक प्रसार करप हांतुल्यान गोयात वेलनेस टुरीझमाक तशेंच medical tourism hub फुडार आसा तशेंच national instirute of hospitality for catering स्थापन करप पर्यटन मळाक बरो वाव आसा अशे Travel and tourism association of goa चे अध्यक्ष jack sukhija हांणी म्हळा.

जाल्यार bio pharma income tax act simplification , semi conductor mission, हाचो अभ्यास करून तयार कूल्लो हो श्र परीपुर्ण आनी देशाच्या उदरगतीचो बेसबरो आराखडो अशे charted accountant जयराम खोलकार हांणी केंद्रीय अर्थसंकल्पाचेर प्रतीक्रीया दीतना म्हणला.

**मुखेलमंत्री अर्थसंकल्प**

केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी सुदारणा आदारीत आनी लोकप्रधान असो विकसीत भारत अर्थसंकल्प सादर केला. भांडवल खर्चांत वाड, नाल्ल आनी काजू उत्पादनाक अर्थीक मजत, वखदां उद्देगा खातीर खाशेली तजवीज, हाका लागून शेतकारांची येणावळ वाडटली आनी संवसारीक अर्थवेवस्थेचे दिशेन चालू आशिल्ली भारताची प्रगती नेटान जातली, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

केंद्रीय अर्थसंकल्पाक मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे सयत मंत्री तशेच सत्ताधारी आमदारांनी येवकार दिलो. मुखेलमंत्र्यां सयत हेर मंत्री तशेच आमदारांनी आपआपले वाठारात स्क्रीनीचेर अर्थसंकल्पी भाशण आयकले.

**संवसारीक बोरीकार सम्मेलन**

संवसारीक बोरीकार सम्मेलनाचो सतरावो वर्धापन दीस आयतारा, ८ फेब्रुवारी २०२६, सांजवेळा ४.०० ते सांजवेळा ७.०० मेरेन नवदुर्गा मंदिर मंडप, देउलवाडा, बोरी हांगा मनयतले.ह्या काऱ्यक्रमाचें अध्यक्ष म्हूण डॉ अजय वैद्य आनी मुखेल सोयरो महेंद्र जोसेलीनो अरौजो आल्वारीस (फामाद कलाकार आनी बिग फुटचो संस्थापक) हाजिर आसतले.बोरी डेव्हलपमेंट ट्रस्टान चालीक लायिल्लीं वेगवेगळीं उदरगत कामां ह्या सुवाळ्यांत सादर करतले, तशेंच पुराय बोरी गांवांतली सुप्त आनी बरी प्रतिभा सादर करतले. 2010 वर्सा सावन संवसारीक बोरीकार संमेलन (आतां बोरी डेव्हलपमेंट ट्रस्ट) वेगवेगळ्या मळा वयल्या नामनेच्या बोरीकारांच्या उगडासाक बोरी पुरस्कार दिता.

अंदूच्या पुरस्कारांची घोशणा अशी केल्या: • “लक्ष्मीदास बोरकर स्मारक पत्रकारिता पुरस्कार”

(स्वातंत्र्यसेनानी लक्ष्मीदास बोरकर हांच्या यादीक)

— धर्मानंद कामत, वरिश्ठ पत्रकार हांका फावो जाला• “कवी बकीबाब बोरकार स्मारक पुरस्कार”

(पद्मश्री कवी बाल्कृष्ण भगवंत बोरकार – बकीबाब हांच्या यादीक) अरुण सखरदांडे, वरिश्ठ कवी आनी लेखक हांका फावो जाला.

• “बोरी धनवंतरी भूषण पुरस्कार”(डॉ रमेश आत्मराम बोरकर हांच्या उगडासाक)

— कुंकळीचो वरिश्ठ दोतोर आनी समाजसेवक डॉ प्रकाश कुराडे हांका फावो जाला.

• “सौ .रुक्मिणीबाई बोरकार स्मारक समाज सेवा पुरस्कार”

(रुक्मिणीबाई बाल्कृष्ण बोरकर हांच्या उगडासाक)

— श्री. अनूप प्रियोलकार, अध्यक्ष – लोकविश्वास, गोंय हांका फावो जाला.

• "अपरंत ज्ञानमणि पुरस्कार"

(पं. तुलशीदास बोरकर हांच्या यादीक)

— पं. शरद मठकर, भारतीय शास्त्रीय संगीत गुरू हांका फावो जाला.

**शेकोटी साहित्य संमेलन**

कोंकण मराठी परिशदेच्या २० व्या शेकोटी साहित्य संमेलनाचो आयज समारोप जालो. ३१ जानेवारी आनी १ फेब्रुवारी अशें दोन दिस केरी फोंडा हांगासरल्या श्री विजयादुर्गा संस्थान सभाघरांत हे संमेलन संपन्न जाले. आयज सकाळी ह्या संमेलनात : ए.आय. आणि समाज स्वास्थ्य ह्या विषयाचेर प्रा. रामराव वाघ हांच्या येजमानके खाला युवासृजन संवाद जालो. प्रा. डॉ. गीता वेर्लेकर, डॉ. मधुसुदन जोशी, भक्ती महाजन, प्राप्ती गावकर नेहा उपाध्ये, श्रेया टेंगसे, आनी संगीता नाईक हांणी हांतूत वांटो घेतलो. उपरांत पुस्तकातील नायिका बोलतात तेंव्हा ह्या संकल्पने खाला लेखीका मनस्विनी प्रभुणे हांच्या अध्यक्षतेखाला परिसंवाद जालो. ताचे नंतर निमंत्रितांचे कविसंमेलन आनी समारोप अशो कार्यावळी जाल्यो.

**जयंत प्रभुदेसाय**

विद्यार्थ्यांची इत्साशक्त, स्मृती, सहनशक्ती, मनाची एकाग्रताय आनी आत्मविस्वास वाडोवपा खातीर तांकां भुरगेपणांतल्यान प्राणायाम आनी सूर्य नमस्कार शिकोवप गरजेचें आसा अशें योगगुरू श्री. जयंत प्रभुदेसाय हाणी शिरोडा हांगा सांगले .रथ सप्तमी उत्सव निमत साधून श्री. शिवनाथ संस्थान हाणी ही कार्यावळ आयोजित केल्ली.ह्या वेळार श्री. शिवनाथ संस्थानाचे मुख्त्यार श्री. सुजय प्रभुदेसाय, देवळाचे ज्येश्ठ पुजारी श्री. रमेश फडके, वरिश्ठ योग प्रशिक्षक श्री. जयंत प्रभुदेसाय,श्री. दयानंद नायक आनी फोंडा तालुक्याच्या वेगवेगळ्या वाठारांतल्यान सुवाळ्यांत वांटो घेवपी योग साधक पंगडांचे प्रतिनिधी हाजीर आशिल्ले. तांणी दिवो पेटोवन सुवाळ्याचें उक्तावण केलें. प्रभुदेसाई हांच्या मार्गदर्शनाखाला योग साधकांनी ओंकार साधना. ध्यान, व्यायाम आनी उपरांत शंबरां परस चड सामुहीक सूर्य नमस्कार केलो. तशेंच श्रीमती प्रज्ञा आठलेकर हांच्या मार्गदर्शना खाला सामुहीक प्रार्थना आनी श्री. हनुमान चालीसा जाली. फाटलीं जायतीं वर्सां गोंयांत आनी गोंय भायर योगाचो प्रसार आनी प्रचार करपी जयंत प्रभुदेसाय आनी सहाय्यक योग प्रशिक्षक श्रीमती तनुजा राऊल हांकां योग साधकां वतीन भोवमान केलो. समन्वयक श्री. लक्ष्मण नायक हांणी येवकार दिलो आनी श्री. शशिकांत फडके हांणी उपकार मानले.

**सूत्रसंचालन विषयाचेर कार्यशाळा**

शिरोडाच्या निवृत्त माध्यमीक शिक्षक संघटणेन हल्लीच वेगवेगळ्या शाळांतल्या शिक्षकां खातीर सूत्रसंचालन विषयाचेर कार्यशाळा घडोवन हाडली.गोंयची नामनेची सूत्रसंचालिका आनी एंकर संगीता अभ्यंकर हिणें कार्यशाळा घडोवन हाडली. त्या वेळार तिणें शिक्षकांक सूत्रसंचालनाचे मंत्र तंत्र , आवाजांत उतार-चढाव, वेळ, सूचकता तत्परता आसपाक जाय अशे वेगवेगळे गूण सांगून योग्य मार्गदर्शन दिलें. हे कार्यशाळेंत वट्ट 18 माध्यमीक शिक्षक हाजीर आशिल्ले. पयलीं दिवो पेटोवन कार्यशाळेची सुरवात जाली. ते उपरांत संघटनेचो अध्यक्ष पद्मनाभ प्रभुदेसाय हाणें येवकार दिलो आनी आपली वळख करून दिली. हया वेळार श्रीमती एस. कमलाबाई, हायस्कुलाचे प्राचार्य विकास पाटील, संस्थेचे सचीव, प्रकाश नायक, वरिश्ठ शिक्षक नरसिंह पाटील, महेश परंजपे, मेघश्याम नायक, प्रल्हाद जोशी, संतोष नायक, छाया प्रभुदेसाय आनी शशिकांत फडके माचयेर हाजीर आशिल्ले. सहभागी जाल्ल्या सगल्या शिक्षकांक मानेस्तांनी प्रमाणपत्रां दिली. सहभागी सगल्या शिक्षकांनी कार्यशाळा खूब गरजेची अशें सांगून आयोजकांचे उपकार मानले.